**<u>गोंय क्रांती दीस कार्यक्रम</u>**

ता. 11 जून 2021

गोंय क्रांती दिसाचो मुखेल कार्यक्रम शुक्रार ता. 18 जून 2021 दिसा सकाळी 8.45 वरांचेर पणजे आझाद मैदानाचेर जातलो. राज्यपाल श्री. भगतसिंह कोश्यारी आनी मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत आझाद मैदानावयल्या हुतात्मा स्मारकाचेर पुष्पचक्र ओपून आर्गां ओपतले.

हो कार्यक्रम समाजीक अंतराचे सगळें नेम पाळून जातलो. कोरोना म्हामारीक लागून कार्यक्रम हेर मानेस्त वा लोकांखातीर उकतो आसचो ना. गोंय स्वातंत्र्य सैनिक संघटना आनी शाळांच्या भुरग्यांकय कार्यक्रमात सहभागी जावपाक मेळचें ना.

मडगांवां लोहिया मैदानाचेर जावपी गोंय क्रांती दीस कार्यक्रमात उपमुख्यमंत्री श्री. चंद्रकांत कवळेकर, जाल्यार फोंडेच्या क्रांती मैदानाचेर जावपी कार्यक्रमात कला आनी संस्कृती मंत्री श्री. गोविंद गावडे हुतात्म्यांक आर्गां ओपतले.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/524

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji